**युनिफायड बीच क्रिकेट आनी व्हिलचेअर ई-रिक्षाचे उक्तावण**

ता. 2  जानेवारी 2023

राज्य दिव्यांग आयुक्ताचे कार्यालय आनी समाज कल्याण संचालनालयान विशेश ऑलिम्पिक भारत, गोंय, ईजी मुव्ह सोल्युशन प्रा. ली. आनी दिव्यांग हक्क संघटनेच्या सहकार्यान 6 ते 8 जानेवारी 2023 मेरेन आयोजीत केल्ल्या पर्पल फेस्टाचो एक भाग म्हूण फाल्या मंगळार ता. 3 जानेवारी 2023 दिसा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं सकाळी 9.00 वरांचेर मिरामार हांगा युनिफायड बीच क्रिकेट आनी व्हिलचेअर ई-रिक्षाचे उक्तावण जातले.

समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, साळगांवचे आमदार श्री. केदार नाईक, राज्य दिव्यांग आयुक्त श्री. गुरूप्रसाद पावसकर आनी समाज कल्याण संचालक श्रीमती संध्या कामत आनी हेर मानेस्त  ह्या वेळार कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/04

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji